# राज्य लोकसेवा आयोगांच्या अध्यक्षांची राष्ट्रीय परिशद

ता. 19 नोव्हेंबर 2021

केंद्रीय लोकसेवा आयोगाचे वांगडी एअर मार्शल ए.एस. भोंसले हांच्या हस्तुकीं आयज गोंय इंटरनॅशनल सेंटर, दोनापावला हांगा गोंय लोक सेवा आयोगान आयोजीत राज्य लोकसेवा आयोगांच्या अध्यक्षांच्या राष्ट्रीय परिशदेच्या अस्थाही समितीच्या बसकेचे उक्तावण जाले.

राज्य लोकसेवा आयोगांच्या अध्यक्षांच्या राष्ट्रीय परिशदेच्या अस्थाही समितीचे अध्यक्ष आत्ती गुजरात लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. दिनेश दासा, गोंय लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष जुजे मान्युअल नोरोन्हा कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयतना एअर मार्शल ए.एस. भोंसले हांणी राज्य लोकसेवा आयोगांच्या अध्यक्षांची राष्ट्रीय परिशद हे एक खास व्यासपीठ आशिल्ल्याचे सांगून ह्या व्यासपीठाच्या माध्यमातल्यान सगळ्या राज्यांच्या लोकसेवा आयोगांचे अध्यक्ष आपले अणभव आनी विचार मांडटात आनी हांतूतल्यान लोकसेवा आयोगांचे कामकाज आनी वेवस्थापन वेव्हाराची देवाणघेवाण जाता, अशें सांगलें.

एअर मार्शल ए.एस. भोंसले हांणी देशाचे आदले संरक्षण मंत्री आनी गोंय राज्याचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या वांगडा केल्ल्या सेवेचो उगडास केलो. तांणी लोक सेवा आयोगांचे मुल्ल्यांकन करपा विशींय विचार उक्तायले.

अरूणांचल लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष निपो नाबम, बिहार लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष आर. के. महाजन, आंध्रप्रदेश लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष प्रो. पी. उदय भास्कर, उडीसा लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष सत्यजीत मोहंती, तेलंगण लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष डॉ. बी. जनार्धन रेड्डी, उत्तराखंड लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष मे. जनरल (निवृत्त) आनंद सिंग रावत, उत्तर प्रदेश लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष संजय श्रीनेत, खास निमंत्रीत अस्थाही समितीचे आदले अध्यक्ष प्रो. घान्ता चक्रपाणी आनी हेर प्रतिनीधी बसकेक उपस्थित आशिल्ले.

सुरवातीक गोंय लोक सेवा आयोगाचे अध्यक्ष जुजे मान्युअल नोरोन्हा हांणी येवकाराचे उलवप केले.

गोंय लोक सेवा आयोगाचे वांगडी डॉ. सुखाजी जी. नाईक हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/978

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji